शारां आनी उदरगत खात्याचे मंत्री विश्वजीत राणे हांणी आयज पेडण्यां नगरपालिकाच्या नव्या इमारतीचें उक्तावण केलें.

संसदेन गोवा राज्यातल्या विधानसभा मतदारसंघांत अनुसूचित जमातींच्या प्रतिनिधित्वाचे पुनरसमायोजन विधेयक, २०२५ मंजूर केला आनी  राज्यसभेन आज ताका मंजुरी दिली.

परवानो नासताना कसलोच टॅक्सी एप राज्यात चलचो ना. उबरसयत परवानो नासताना एप टॅक्सी सूरू जाली जाल्यार खर कारवाय जातली अशे येरादारी खात्याचे मंत्री मावीन गुदिन्हो हाणी म्हणला.

भारतीय  हवामान खात्यान आयज हिमाचल प्रदेश, उप हिमालयन अस्तंत बंगाल, सिक्किम आनी उत्तराखंडतर घोग्यांनी   पावस पडपाचो अदमास उक्तायला.

गोंयांत  अल्पसंख्यांक आयोगाची गरज ना अशे विधान आयज पंचायत मंत्री मावीन गुदीन्हो हांणी आयज केला.

शारां आनी उदरगत खात्याचे मंत्री विश्वजीत राणे हांणी आयज पेडण्यां नगरपालिकाच्या नव्या इमारतीचें उक्तावण केलें. हो ह्या इमारतीच्या कामाचो पयलो टप्पो. इमारतीच्या पयल्या टप्यात  नगरपालिकेच्या प्रशाससकीय कार्यालयांचो आस्पाव आसा.  पेडणे नगरपालिकेच्या ह्या पयल्या टप्यातल्या कामाक सुमार 9 कोटी रुपया खर्च केल्या. पेडणे नगरपालिका इमारतीच्या उक्तावणासयत मंत्री विश्वजीत राणे हांणी नुतनीकरण केल्ल्या सर्गेस्त रेशा माशेलकार पार्काचेंय उक्तावण केलें.

पेडणे शार कशें आसचें, नगरपालिकेच्या दुसऱ्या टप्प्यातल्या कामांत किदें साधन सुविधा आसच्यो, हांचेविशीं थळाव्या आमदारान, नगरपालिका मंडळ आनी थळाव्या लोकांवांगडा

बसका घेवन थारावचें आनी तशी सुचोवणी आपल्याक करची अशें राणे हांणी ह्यावेळार उलयतना सांगलें. गोंय साधन सुविधा उदरगत मंडळावरवी दुसऱ्या टप्यातल्या इमारतीच्या कामाच्या 30 टक्के कामाक मंजूरी दिवपाचे हांव चवथीउपरांत यत्न करता अशें भलायकी मंत्री विश्वजीत राणे हांणी सांगलें. पेडणे विकसित करपाक जाय. गांव विकसित जायत जाल्यार भारत विकसित जावप शक्य जातलें. पेडण्यात मनरिजवणीची साधना जशें की आयनोक्स, मल्टीप्लेक्स आनी हेर भौशिक सुविधा उपलब्ध आसप गरजेचे आसा अशेय मंत्री विश्वजीत राणे हांणी म्हळें. दुसऱ्या टप्प्यांत नुस्त्याचें मार्केट तशेंच मार्केटा आशि-कुशीकच्या आशिल्ल्या पसऱ्यांखातीर वेगळी सुवात उबारपाचो प्रस्ताव आसा अशेंय मंत्री राणे हांणी ह्यावेळार उलयतना सांगलें.

कार्यावळीक पेडणे म्हालाचे थळावे आमदार प्रवीण आर्लेकार, पेडणे नगरपालिकेचे म्हापौर मनोज हरमलकर, उप- म्हापौर उषा नागवेकर, नगरसेवक तशेंच पेडणेचे नागरीक व्हडा संखेन हाजीर आशिल्ले. पेडणेचे आमदार प्रवीण आर्लेकार हांणी आपलें कार्यालय कार्यालय पेडणे नगरपालिकेच्या नव्या वास्तूत स्थलांतरीक केलें. मंत्री विश्वजीत राणे हांणी हे वास्तुक भेट दिली.

पोरनी नगरपालिका इमारत मोडल्या उपरांत पेडणे पालिकेचें कार्यालय सुमार तीन वर्सां खातीर पेडणेच्या कंदब बसस्थानकार स्थलांतरीत केल्लीं. वर्स 2022'त मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी पेडणे नगरपालिकेच्या नव्या इमारतीच्या बांधकामाचो बुन्यादी फातर घाल्लो. खुप वर्सांउपरांत पेडण्याक चकचकीत नवी वास्तु मेळ्ळी म्हुण पेडणेकारांनी खोस परगटायल्या.

भारत स्वतंत्रदिसाच्या फांटभुंयेर शुक्रारा १५ ऑगस्टाक मडगांवां, दक्षिण गोंय जिल्हो मुख्यालयात तिरंगो बांवटो हुबोवन तिरंग्याक मानवंदना दितले. ही कार्यावळ माथानी साल्धाना प्रशासकीय संकुलात जातली. हे कार्यावळीक मडगांवचे आमदार दिगंबर कामत मुखेल सोयरे म्हुण हाजीर आसतले अशें दक्षिण गोंय जिल्हो मुख्यालयान कळीत केलां.

संसदेन गोवा राज्यातल्या विधानसभा मतदारसंघांत अनुसूचित जमातींच्या प्रतिनिधित्वाचे पुनरसमायोजन विधेयक, २०२५ मंजूर केला आनी राज्यसभेन आज ताका मंजुरी दिली.

विवेकानंद केंद्र गोंय फाव्यांन तरनाट्यांखातीर फुडारपण कुशळताय विशयावेल्यो साबार कार्यावळी आखल्यांत अशी म्हायती ह्या केंद्राचे निमंत्रक वल्लभ केळकर हांणी दिल्या. राज्य पांवड्यावेल्या ह्या नेतृत्व विकसन कार्यावळींत वेगवेगळ्या सर्तींचो आनी कार्यावळीचो आसपाव आसा. २० ऑगस्टाक पणजेच्या मिनेझीस ब्रागांझा सभाघरांत वंदे मातरम ह्या विशयाचेर वक्तृत्व सर्त जातली. त्याच दिसा ह्या विशयाचे रील सर्त लेगीत जातली अशी माहिती वल्लभ केळकर हांणी दिली. १२ ऑगस्ट मेरेन सर्तीखातीरची नोंदणी करची अशें आयोजकांनी कळीत केलां.

परवानो नासताना कसलोच टॅक्सी एप राज्यात चलचो ना. उबरसयत परवानो नासताना एप टॅक्सी सूरू जाली जाल्यार खर कारवाय जातली अशे येरादारी खात्याचे मंत्री मावीन गुदिन्हो हाणी म्हणला. भाजप कार्यालयात प्रत्रकार परिशदेत ते उलयताले.

हे वेळार आमदार रुडोल्फ फर्नांडिस आनी आदले आमदार ग्लेन टिकलो हाजीर आशिल्ले.

गोयांत सगळ्या धर्मामदी एकचार आसा. सगळ्या येवजणेंचो लाव सगळ्या लोकामेरेन पावता. हाका लागून खासा अल्पसंख्यांक आयोग स्थापन करपाची गरज ना. राज्यात सगळ्या धर्मामदी शांतीकाय आसा, अशे मंत्री गुदिन्हो हाणी हे वेळार सांगले.

गोंय विधानसभा मतदारसंघांत अनुसूचीत जमातींच्या प्रतिनिधीत्व पुनर्वसन येवजण विधेयक, २०२४'विधेयक  आयज राज्यसभेत संमत केलें. आतां हें विधेयक राष्ट्रपती संमती खातीर धाडटले. फाटल्या सप्तकांत लोकसभेन हें विधेयक संमत केल्लें.

लोकसभेच्या मंजुरी उपरांत राज्यसभेची मंजुरी मेळतकच गोंयांत अनुसूचीत जमातीं खातीर विधानसभा वेंचणुकेंत आरक्षीत जागा निश्चीत करपाक मेळटले.

गोंयात अनुसूचीत जमातींची लोकसंख्या १ लाख ४९ हजारांचेर आसा. हेच फाटभूंयेर अनुसुचीत जमातीचे विधानसभेंत प्रतिनिधित्व निश्चीत करप गरजेचें  आसा  ह्या हेतान सरकारान हे विधेयक हा संसदेंत विधेयक मांडून गोंयच्या अनुसुचीत जमातींच्या आकांक्षांक मान्यताय दिल्ल्या खातीर राज्यसभेचे खासदार सदानंद शेट तनावाडे हांणी प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी  गृहमंत्री अमित शाह , आनी समाजीक न्याय आनी सशक्तीकरण मंत्री वीरेंद्र कुमार हांचे उपकार मानल्यात.

लोकशायेचेर विस्वास, दुर्लक्ष जाल्ल्या समाजां कडेन उबे रावप आनी तांकां स्वताचो फुडार घडोवपाक सशक्त करप हो ह्या विधेयकाचो मुख्य हेतु आसा. गोंय हें एक ल्हान राज्य, पूण ताची भावना अफाट आसा, हो कायदो समावेशी शासन आनी अंत्योदय तत्वगिन्यानाची वेव्हारीक अंमलबजावणी करपाक मार्गदर्शक करपी थारतलो.

संसदेंत विधेयक मांडून गोंयच्या अनुसुचीत जमातींच्या आकांक्षांक मान्यताय दिल्ल्या खातीर राज्यसभेचे खासदार सदानंद शेट तनावाडे हांणी प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी, गृहमंत्री अमित शाह, आनी समाजीक न्याय आनी सशक्तीकरण मंत्री वीरेंद्र कुमार हांचे उपकार मानल्यात.

गोंयांत अल्पसंख्यांक आयोगाची गरज ना अशे विधान आयज पंचायत मंत्री मावीन गुदीन्हो हांणी आयज केला.गोयात आशील्ल्या अल्पसंख्यांक नागरीकांक केंद्र तशेंच राज्य सरकाराच्या सगल्या सरकारी येवजण्यांचो लाव मेळटा ताका लागुन गोयात तरी अशा आयोगाची गरज ना अशे मंत्री मावीन हांणी म्हणला. पणजे भाजप मुख्यालयात घेतील्ल्या पत्रकार परीशदेवेळार ते उलयताले.

वेगळो आयोग केल्यार ताचो कांयच उपेग जावचो ना .कांय राजकी पक्ष अशा आयोगाची स्थापणुक करपाची मागणी करून वाद तयार करपाक सोदतात,गोंयच्या अल्पसंख्यांक नागरीकांनी सरकाराचेर विस्वास दवरून ह्या सरकाराक तीनदा निवडुन हाडला हे काय राजकी पक्षांक खटकला,ताका लागुन राजकी हेतान गोंयात अल्पसंख्यांक आयोगाची मागणी हे विरोधी पक्ष करतात असो आरोप मंत्री मावीन गुदीन्हो हांणी केला.गोंयच्या अल्पसंख्यांकांक खंयच्या येवजण्यांचो लाव मेळटा ताची वळेरी ह्यावेळार मंत्री मावीन हांणी वाचुन दाखयली. ह्या पत्रकार परीशदेक आमदार रूदाल्फ फर्नाडीस तशेंच भाजपाचे फुडारी ग्लेन टीकलो हाजीर आशील्ले.

परवानो नासताना कसलोच टॅक्सी एप राज्यात चलचो ना. उबरसयत परवानो नासताना एप टॅक्सी सूरू जाली जाल्यार खर कारवाय जातली अशे येरादारी खात्याचे मंत्री मावीन गुदिन्हो हाणी म्हणला. भाजप कार्यालयात प्रत्रकार परिशदेत ते उलयताले.

हे वेळार आमदार रुडोल्फ फर्नांडिस आनी आदले आमदार ग्लेन टिकलो हाजीर आशिल्ले.

गोयांत सगळ्या धर्मामदी एकचार आसा. सगळ्या येवजणेंचो लाव सगळ्या लोकामेरेन पावता. हाका लागून खासा अल्पसंख्यांक आयोग स्थापन करपाची गरज ना. राज्यात सगळ्या धर्मामदी शांतीकाय आसा, अशे मंत्री गुदिन्हो हाणी हे वेळार सांगले.

भारतीय  हवामान खात्यान आयज हिमाचल प्रदेश, उप हिमालयन अस्तंत बंगाल, सिक्किम आनी उत्तराखंडतर घोग्यांनी   पावस पडपाचो अदमास उक्तायला . तशेंच अंडमान आनी निकोबार जुंवे, अरुणाचल प्रदेश, आसाम, मेघालय, बिहार आनी उदेंत मध्य प्रदेशातुय घोग्यांनी  पावस पडपाचो अदमास हवामान खात्यान उक्तायला. हरियाणा, चंडीगढ, कर्नाटक, केरळ, माहे, पंजाब, तमिळनाडू, पुडुचेरी, कराईकल, तेलंगना आनी उत्तर प्रदेशांतुय  अशीच परिस्थिती आसपाची  शक्यताय आसा. जम्मू, काश्मीर, लद्दाख, गिलगीत, बाल्टीस्तान, मुजफ्फरबाद, झारखंड आनी बिहारात  वादळी वारें आनी गडगड आणि  वीज पडपाची शक्यताय आसा अशे IMDन कळीत केला.

सध्या गायभरात हर घर तिरंगा ही माहीम सुरु जाल्ली असून याच मोहिमेचो एक वांटा म्हूण मडगावच्या रवीन्द्र भवनान फाल्या १२ ऑगस्टाक ह्याच माहिमेचेर आदारित देशभक्ती पंगड गीतगायन कार्यावळ घडोवन हाडल्या.

रवीन्द्र भवन मडगावचे अध्यक्ष राजेंद्र तालक हांणी ही म्हायती दिली. रवीन्द्र भवनाच्या परिशद घरात सकाळी १०.३० वरांसावन ही कार्यावळ सुरु जातली आनी ती सगल्यांक उक्ती आसतली अशें तांणी कळीत केला.

कोंकणी भाशा मंडळान घडोवन हाडिल्ल्या शणै गोंयबाब कथामाळेचो निकाल जाहीर जाला. हे सर्तीत पयली ते चवथी ह्या गटात मडगावच्या विद्याभूवन कोंकणी शाळेची यान्वी वळवयकार, पाचवी ते सातवी ह्या गटात महालक्ष्मी विद्यालय, कुडणे हांगाच्या ग्रंथा मळीक जाल्यार आठवी ते धावी ह्या गटात सेंट जोजफ हायस्कूल वास्को हांगाच्या आविया नायक हांकां पयली सुवात फावो जाली.

काल हो इनामां वांटप सुवाळा◌े जालो. ह्या सुवाळ्याक मुखेल सोयरे म्हूण कोंकणी कवी रमेश घाडी हे हाजीर आशिल्ले. आदले शणै गोंयबाब सर्तीचे संयोजक सुरेल तिळवे, मंडळाची अध्यक्ष रत्नमाला दिवकार, सचीव मंगलदास भट, भांडारी पुरुषोत्तम वेर्लेकार, संयोजक उल्हास गांवकार, सह संयोजक गौरांग भांडिये आनी हेर मानेस्त हाजीर आशिल्लें.

काल मडगांवच्या कोंकणी भाशा मंडळाच्या सभाघरांत सर्त आयोजीत केल्ली.

इनामां वांटप सुवाळ्याक कवी रमेश घाडी हांणी सांगलें, सदांच जिणेंत घडिल्ल्यो गोश्टीं सांगीत गेलो. आवय बापायचो जिणेंत खूब आदार लाबलो. उतरांची जोड आसल्यार अभिव्यक्त जावपाक कळाव लागना. सदांच काणयो वाचात, आयकात आनी जीण घडयात अशें कवी रमेश घाडी हांणी सांगलें.

येवकार उलोवप मंडळाची रत्नमाला दिवकार हिणें मंडळाच्यो कथामाळ आनी पेडूल ह्यो दानय उत्तम भाशा मंडळाचे शिक्षणीक उपक्रम आसात.